## गोंयांत आमकां नाका व्यसन - संकल्पनेचेर  गायन सर्त

ता: 21 जून 2021

दक्षीण गोंय  जिल्हा समितीन भारत सरकाराच्या सामाजिक न्याय आनी सबलीकरण मंत्रालयाच्या नशा मुक्त भारत अभियान उपक्रमाखाला कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या समन्वयान दक्षीण गोंयांतल्या सर्वसामान्यांखातीर ऑनलाईन एकोडी गायन सर्त आयोजीत केल्या. व्यसन मुक्त समाज घडोवपाच्या उद्देशान कोंकणी, मराठी, हिंदी आनी इंग्लिश भाशेंत "गोंयांत आमकां नाका व्यसन" संकल्पनेचेर ही सर्त आयोजीत केल्या.

ही सर्त दोन पिराय गटात म्हळ्यार ज्युनीयर गट 14  ते 17 वर्सां आनी  सिनियर गट 18 वर्सां आनी त्या वयल्या पिराय गटाखातीर घेवपात येतली.  जैतवंतांक रोख इनामां दिवपात येतली तशेंच उत्कृश्ट गीतकार / खास संदेशाखातीर  पुरस्कार दिवपात येतले. दोनीय गटांत पयल्या तीन जैतवंतांक रोख रू. 8,000/, रू.5,000/- आनी रू.3,000/- तशेंच उत्कृश्ट संदेश / गीताक 5,000/- रूपयांचे एक इनाम दिवपात येतले.

इत्सुक सर्तकांनी रवींद्र भवन, मडगांव हांगा उपलब्ध आशिल्ले प्रवेश अर्ज भरून ता. 30 जून 2021 मेरेन आपल्या गाण्यासयत दिवपाक जाय. सर्तकान शूट केल्लो पुराय गाण्याचो व्हिडिओ कमीत कमी 4 मिनटा आनी चडांत चड 6 मिनटाचो आसपाक जाय आनी तो  10 जुलय 2021 दिसा सीडी वा पेन ड्राईव्हा मार्फत आयोजकांक सुपूर्द करपाक जाय. परिक्षकांचो निर्णय अंतिम आनी बंधनकारक आसतलो. जैतवंत गाण्याचो व्हिडिओ सामान्य लोकांमदी जागरूकताय करपाखातीर  सोशल मीडियाचेर प्रकाशीत करपात येतलो.

सर्तींत वाटो घेवपाखातीर  प्रवेश शुल्क आसचे ना. चड म्हायतीखातीर पालवी सांस्कृतिक अधिकारी श्रीमती पुनम बुदाळकर आनी  सांस्कृतिक संघटक श्रीमती बिंदिया नाईक, रवींद्र भवन मडगांव हांचेकडेन 0832-2700023, 2726980 ह्या फोन नंबरावयल्यान संपर्क करचो.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/546

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji